गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातं

पणजी-गोंय

पत्रक

**<u>सप्टेंबर म्हयन्याचो रेशन कोटा</u>**

ता. २२ ऑगस्ट २०१९

३१ श्रावण १९४१

सप्टेंबर २०१९ म्हयन्यात अंत्योदय अन्न येवजण कार्डधारकांक ३ रूपया दरात ३५ किलो तांदूळ आनी १३.५० रूपया दरान १ किलो साखर दितले, जाल्यार प्राधान्यक्रम कुटुंबांक ३ रूपया दरान एका कार्डाफाटल्यान ५ किलो तांदूळ दितले. एपीएल कार्डधारकांक १२.५० रूपया दरान १० किलो तांदूळ आनी १० रूपया दरान ८ किलो गंव दितले. अन्नपूर्णा कार्डधारकांक १० किलो तांदूळ फुकट दितले. कल्याणकारी संस्थांक कोट्याप्रमाण ६.१५ रूपया दरान तांदूळ आनी गंव ४.८० रूपया दरान दितले.

सवाय धान्य दुकानदारांनी ३० ऑगस्ट २०१९ मेरेन आपलो धान्य कोटा उचलून कार्डधारकांक वितरीत करचो. धान्य कोटा उचलपाक मुजत वाड मेळची ना.

रेशनकार्डधारकांनी सप्टेंबर २०१९ म्हयन्याचो रेशन कोटा आपल्या संबंदीत सवायधान्य दुकानातल्यान व्हरपाक जाय. धान्याविशी कसलीय कागाळ आसल्यार रेशनकार्डधारकांनी संबंदीत मामलेदार वा नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याकडेन करची.

मा/वाप/एमएस/जॉन/विगा/प्रधु/२०१९/५३४

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA